**अखील गोंय आंतर महाविद्यालयीन/उच्च माध्यमिक शाळा तियात्र सर्त 2023-24**

ता. 1 सप्टेंबर 2023

गोंय तियात्र अकादमीन मडगांवच्या रवींद्र भवनात 4 ते 18 सप्टेंबर 2023 मेरेन तिसऱ्या अखील गोंय आंतर महाविद्यालयीन/उच्च माध्यमिक शाळा तियात्र सर्त 2023-24 चे आयोजन केला. सर्त सांजेच्या 3.30 वरां सावन सुरू जातली.

सर्तीच्या उक्तावणाचो कार्यक्रम 4 सप्टेंबराक सांजेच्या 3.00 वरांचेर जातलो आनी उपरांत 3.30 वरांचेर कुजिरा-बांबोळीच्या एस.एस.धेंपो वाणिज्य महाविद्यालया वतीन "देव न्हिदोंक ना" तियात्र सादर करपात येतलो. 8 सप्टेंबराक पिलारच्या फा.आग्नेल उच्च माध्यमिक विद्यालयावतीन "धोंदो" तियात्र सादर करपात येतलो. 9 सप्टेंबराक म्हापशेंच्या सेंट झेव्हियर महाविद्यालयावतीन "गिराण" तियात्र सादर करपात येतलो. 11 सप्टेंबराक मडगांवच्या पार्वतीबाई चौगुले कला आनी विज्ञान महाविद्यालयावतीन "उलोवपाक जाय" तियात्र सादर करपात येतलो. 12 सप्टेंबराक पिलारच्या फा.आग्नेल कला आनी वाणिज्य विद्यालयावतीन "आय एम सॉरी" तियात्र सादर करपात येतलो. 14 सप्टेंबराक नावेलीच्या रोझरी वाणिज्य आनी कला महाविद्यालयावतीन "सांकोव" तियात्र सादर करपात येतलो. 15 सप्टेंबराक कला अकादमीच्या थिएटर आर्टस् महाविद्यालयावतीन "दायज" तियात्र सादर करपात येतलो. 18 सप्टेंबराक कुठ्ठाळीच्या सेंट जुजे वाज महाविद्यालयावतीन "एटेंशन प्लिज" तियात्र सादर करपात येतलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/684

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity


Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.